# <u>नाविकां खातीर सुचोवणी</u>

पणजीः ता. १९ ऑक्टोबर २०१८
आश्विन २७, १९४०

सीएसआयआर-राष्ट्रीय समुद्रविज्ञान संस्था, दोनापावला हांच्या वरवीं उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंयातल्या  दर्यादिगे वयल्या उक्त्या समुद्रात समुद्री मेजमापणी उपक्रम राबोवपांत येतलो. ऑक्टोबर-नोव्हेंबर २०१८ त ३५ दीस उत्तर गोंय दर्यादिगे वयल्या  शिकेरी ते बागा मेरेन आनी नोव्हेंबर-डिसेंबर २०१८ त ३५ दीस  वेळसांव ते मोबोर मेरेन हो उपक्रम चालू आसतलो, अशीं म्हायती बंदर खात्यान दिल्या.

वयल्या समुद्री भागात वावुरपी बार्जी, प्रवाशी बोटी, फेरीबोट, ट्रॉलर्स, पर्यटक बोटी, क्रुझ बोटी आदींच्या मालकांनी नीट लक्ष दिवन, सावकासायेन वचपाचे आनी  गरज भासल्यार ह्या  काळात सुरक्षित अंतर दवरचे, जाकां लागून ह्या उपक्रमात बाधा येवंक जायना. तशेंच त्यावेळार गस्तीर आशिल्ल्या बोटीं कडल्यान दिल्या सुचोवण्यांचे पालन करचें अशी सावधगिरीची सुचोवणी दिल्ली आसा.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/**२०१८/१६७५